प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या केंद्र सरकाराक 11 वर्सा पुरया जाल्यात. हे फांटभुयेर देशाशभरात भाजप पक्षान वेगवेगळ्या कार्यावळीचें आयोजन केला. दिल्लीत हे विंशी भाजपाची मुखेल कार्यावळ 8 जुनाक जातली जाल्यार हेर राज्यांनी 9 जुनाक हे फाटंभुयेरं कार्यावळी जातल्यो. गोंयात लेगीत 9 जुनाक हे फाटभुयेरं कार्यावळीचे आयोजन केला.जाल्यार जिल्हा पावंड्याचेंर देशभरात 11 जुन मेरेन कार्यावळी जातल्यो अशी अशी म्हायती भाजपाचे राश्ट्रीय सरचिटणिस दुश्यंत कुमार गौतम हांणी दिल्या. पणजे भाजप मुख्यालयात मोदी सरकाराक 11 वर्सा पुराय जाल्याचे फांटभुयेंर दुश्यंत कुमार गौतम हांणी गोंयच्या भाजपाचे मंत्री , आमदार आनी कार्याकत्यावांगडा बसका घेतली. विकसित भारत 2047 ची मोख दवरतना , ह्या 11 वर्सात मोदी सरकारान सेवा, सुशासन, आनी गरीब कल्याणक कसे महत्व दिला हे विंशी लोकामदी जागृताय करता असो आदेश दुश्यंत किमार गौतम हांणी ह्या बसकेक हाजीर आशिल्याक दिला. संकल्प से सिद्दी ह्या संकलप्नेचेर मोदी सराकराच्या 11 वर्साच्या कार्यावळीचे आयोजन जातले अशीय म्हायती तांणी बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिली. हे शिवाय 17-20 जुन मजगती भाजप पक्षावतीन योग प्रशिक्षण तशेचं योग विशयक हेर कार्यावळीचे आयोजन देशभरात जातले. जाल्यार 5 जुन ते 15 ऑगस्ट मजगती देशभरात भाजप पक्षान पर्यावरण दिसाच्या फाटभुयेंर झाडा रोवपाची कार्यावली आयोजित केल्या. 23 जुनाक अखिल भारतीय जन संघाचे संस्थापक श्यामा प्रसाद मुखर्जी हांच्य यादस्तिक बलिदान दिस पाळतले, जाल्यार 25 जुनाक कॉग्रेसीच्या काळात आणी बाणी लागु केल्याचो निशेध म्हण भाजप पक्ष आणी बाणीचो देशाचेर जाल्या परीणामाची जागृताय करपाक खासा कार्यावळ आयोजित करतली अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दिल्या. ह्या पत्रकार परीशदेक भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक आनी राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हाजीर आशिल्ले.

आयआयटी प्रवेशा खातीरच्या जेईई अॅडवान्स परीक्षेत अंबाजी फातोर्डा हांगच्या नावीन्य देसाय हाणे गोंयांत पयलो क्रमांक मेळयला. पुराय देशात ताचो क्रमांक 470 आसा. जेईई मेन्स परीक्षेत लेगीत गोंयांत तो पयलो आयला. स्पर्श आजगावकार हाणे दुसरो क्रमांक मेळयला. स्टेफन सिल्वा, सुहित म्हांब्रे, क्रिश पारेख, स्टीव्ह बार्रेटो, रिषीत कुलकर्णी, तनय महाजन, रूषी नायक, आहना संगुई , मार्क परेरा हाणी लेगीत

जेईई ॲडवान्स परीक्षेत व्हड येस मेळयलां. आयआयटी सयत अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयाचो प्रवेश जेईई परीक्षेच्या गुणांचेर जाता.

गोंय सराकरान चालीक लावपाक येवजिल्ली taxi aggregator appक गोंयांतल्या खासगी टर्क्सी वेवसायिकांनी विरोध केला. ॲपाचेर सर्विस सुरु जायत जाल्यार तांचो फटको टॅक्सी वेवसायक बसतलो आनी गोंयचो टॅक्साकारांचो वेवसाय धोक्यात येतलो अशे ह्या टॅक्सा वेवसायिकांचे म्हणणे आसा. कॅब एग्रिगेटराच्या मुसद्याआड लेखी विरोध करपी निवेदना तशेंच सुचोवण्यो गोंयच्या कांय टॅक्सी वेवसायिकांनी दिल्या. हे फाटंभुयेरं पणजे जुन्ता हावसा कार्यालयाच्या इमारती सामकार टॅक्सीकारंच्यो रांको पळोवपाक मेळ्यो. इतले मजगती उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यांन कलम १४४ म्हणल्यारुच जामवबंदी आदेश लागु केल्यान टॅक्सीकारांनी शिस्तबद्द पध्दतीन आपल्यो हरकती येरादारी खात्याकडे नोंद केलयो ह्यावेळार कडक पुलिस बंदोबस्त आशिल्लो. सरकरान २० मे क एग्रिगेटर ॲप मापर्गदर्शक तत्वाची नेमावळीचो मसुदो अधिसुचित केल्लो. जाल्यार ह्या ॲपा विशी संबंधित जाळवणदारां कडल्यान आनी सर्वसामान्यां कडल्यान ३० दिसाची मुजत दिवन सुचोवण्यो आनी हरकती मागयिल्लयो. हे फांटभुयेंर टॅकसीकारांनी हरकती आनी सुचोवण्यो नोंद केल्यात.

दक्षिण गोंय जिल्हो दंडाधिकाऱ्यान दक्षिण गोंय जिल्ह्याच्या मर्यादे भितर धबधबे, खणी, न्हंयो, तळीं आनी हेर तत्सम सैमीक उदका स्त्रोतांत पेवप, न्हावप वा भितर सरपाचेर बंदी घाल्या. दक्षिण गोंय जिल्ह्यांतल्या वेगवेगळ्या सैमीक उदका थरांत पावसाच्या दिसांनी बुडपाची घडणूक वारंवार घडटा तें पळोवन हो आदेश जारी केला.आदेशाचें उल्लंघन करप्याक भारतीय दंड संहिता 2023 च्या कलम 223 खाला ख्यास्त दितले.

राज्यात नैऋत्य मान्सून सक्रिय जाला. फाटल्या 24 वरात राज्यात चडशा सुवातिनि हलको ते मध्यम पाऊस पडला. चडान चड तापमान 32.4 डीसी आणि उणयात उणे 25 डीसी आणि हवेतली आर्द्रता 77% नोंद जाल्या. नैरुत्य आनी अस्तंत मध्य अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी आनी अस्तंत मध्य अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी वराक ४५ ते ५५ किमी. वेगान वादळी वारे व्हावपाची शक्यता आसा. या काळात नुसते मारपयांनी दऱ्यांत वचचे नय असो सललो बेधशाळेन दिला तशेच गोय आणि कोकणात घोगयानी पावस पडू येता असो अदमास उक्तायला

इंडियन प्रिमियर लीग (आयपीएल) 2025 सरतीत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी पंजाब किंग्स हांचे मदीं विजेते पदा खातीर खातीर आज खेळ सांजवेळा 7:30 वरांचेर जातलो. चंडीगढांत जाल्ल्या पयल्या क्वालिफायरांत रजत पाटीदाराच्या फुडारपणा खाला आरसीबीन आपल्या प्रतिस्पर्ध्यांचेर आघाडी घेतल्या, कारण चंडीगढांत जाल्ले पयले क्वालिफायरांत आठ विकेटींनी हारोवन फायनलींत थेट प्रवेश मेळयला. पूण दुसऱ्या क्वालिफायरांत मुंबय इंडियन्स आड जाल्ल्या परंभवातल्यान पंजाबाक परत खेळपाची संद मेळ्ळी.